Akashwani Panaji
Regional news

7.25 am 2nd Feb 2026

**अर्थसंकल्प** 2026 200

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सादर केल्ल्या 2026-2027 वर्साच्या केंद्रीय अर्थसंकल्पांत भलायकी आनी बायोफार्मा उत्पादनाक रणनिती प्राधान्य दिलां. 1,000 मान्यताय प्राप्त क्लिनीकल ट्रायल स्थळांची स्थापणूक आनी बायोफार्मा शक्तीची घोशणा, ताचे खातीर ₹10,000 कोटी निधी, क्लिनीकल चांचण्यांक चालना दिवपाक आनी बायोलॉजिकल आनी बायोसिमिलरांच्या घरगुती उत्पादनाक पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाक मदत करतली. आयुश मंत्रालयाक वाडिल्ल्या निधीक लागून मुळाव्या साधनसुविधांचो विस्तार करपाक, दर्जो आनी संशोधन आनी विकासांत सुदारणा करपाक देशांत आनी संवसारीक पांवड्यार मदत जातली. आयुर्वेदीक उत्पादनांची निर्यात करपाचो निर्णय संबंदीत उत्पादनाक लागपी पिकावळीक उर्बा दीवपी थारतली आनी अशा उत्पादनाक लागपी वखदी शेती करपाक मदत करतली अशे ASSOCHAM- गोंय राज्य परिशदेचे अध्यक्ष डॉ. सागर साळगांवकार हांणी म्हणला.

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीताराामनाक केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026 खातीर हांव परबीं दितां; समतोल उदरगत आनी विक्षित भारताची नदर साध्य करपाचो हेतू आशिल्ल्लो आनी आत्मविस्वास आशिल्लो हो अर्थसंकल्प अशे जीसीसीआय ( goa chamber of commerce and industry ) चे उपाध्यक्ष यतीन काकोडकर हांणी म्हळा.

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सितारामण हांणी मांडील्लो अर्थसंकल्प गोंयच्या पर्यटनाच्या नदरेन फायदेशीर आसा. Airlunes, waterways , Railway जोडणी घटमीट करप,तशेंच केन्सरासारख्या दुयेसाची वखदांचे मोल उणे करप,आर्युवदा उपचार पद्धतीक आनीक प्रसार करप हांतुल्यान गोयात वेलनेस टुरीझमाक तशेंच medical tourism hub फुडार आसा तशंच national instirute of hospitality for catering स्थापन करप पर्यटन मळाक बरो वाव आसा अशे Travel and tourism association of goa चे अध्यक्ष jack sukhija हांणी म्हळा.

जाल्यार bio pharma income tax act simplification , semi conductor mission, हाचो अभ्यास करून तयार कूल्लो हो श्र परीपुर्ण आनी देशाच्या उदरगतीचो बेसबरो आराखडो अशे charted accountant जयराम खोलकार हांणी केंद्रीय अर्थसंकल्पाचेर प्रतीक्रीया दीतना म्हणला.

**<u>मुखेलमंत्री अर्थसंकल्प</u>** <u>76</u>

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सुदारणा आदारीत आनी लोकप्रधान असो विकसीत भारत अर्थसंकल्प सादर केला. भांडवल खर्चांत वाड, नाल्ल आनी काजू उत्पादनाक अर्थीक मजत, वखदां उद्‌देगा खातीर खाशेली तजवीज, हाका लागून शेतकारांची येणावळ वाडटली आनी संवसारीक अर्थवेवस्थेचे दिशेन चालू आशिल्ली भारताची प्रगती नेटान जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.केंद्रीय अर्थसंकल्पाक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत मंत्री तशेच सत्ताधारी आमदारांनी येवकार दिलो. मुखेलमंत्र्यां सयत हेर मंत्री तशेच आमदारांनी आपआपले वाठारात स्क्रीनीचेर अर्थसंकल्पी भाशण आयकले.

**<u>जयंत प्रभुदेसाय</u>** <u>156</u>

विद्‌यार्थ्यांची इत्साशक्त, स्मृती, सहनशक्ती, मनाची एकाग्रताय आनी आत्मविस्वास वाडोवपा खातीर तांकां भुरगेपणांतल्यान प्राणायाम आनी सूर्य नमस्कार शिकोवप गरजेचें आसा अशें योगगुरू श्री. जयंत प्रभुदेसाय हाणी शिरोडा हांगा सांगले .रथ सप्तमी उत्सव निमत साधून श्री. शिवनाथ संस्थान हाणी ही कार्यावळ आयोजित केल्ली.हया वेळार श्री. शिवनाथ संस्थानाचे मुख्त्यार श्री. सुजय प्रभुदेसाय, देवळाचे ज्येश्ठ पुजारी श्री. रमेश फडके, वरिश्ठ योग प्रशिक्षक श्री. जयंत प्रभुदेसाय,श्री. दयानंद नायक आनी फोंडा तालुक्याच्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्यान सुवाळ्यांत वांटो घेवपी योग साधक पंगडांचे प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले. तांणी दिवो पेटोवन सुवाळ्याचें उक्तावण केलें. प्रभुदेसाई हांच्या मार्गदर्शनाखाला योग साधकांनी ओंकार साधना. ध्यान, व्यायाम आनी उपरांत शंबरां परस चड सामुहीक सूर्य नमस्कार केलो.

IMD

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३2.2 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 20.4 औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports 32

रुद्रेश्वर युवक संघान गोवा क्रिकेट संघटनेच्या पालवान घेतील्या चालयांच्या क्रिकेट सर्तीत ऑक्सफर्ड पंगड जैतिवंत थारला